॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय ४६ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ धन्य श्रीसाई तुमचे चरण । धन्य श्रीसाई तुमचें स्मरण । धन्य श्रीसाई तुमचें दर्शन । जें कर्मबंधन मोचक ॥१॥ जरी सांप्रत अदृश्यमुर्ती । तरीय धरल्यार भावभक्ती । समाधींतल्यान जागृत ज्योती । [१]सद्यःप्रतिती भक्तां खातीर ॥२॥ दोरी सुक्षीम धरता अशी । पळोवंक गेल्यार दिसना तशी । तरीय भक्तांक खेंचून हाडशी । आसले तरी खंयूय संवसारांत ॥३॥ हाडून सोडशी पांयां कडेन । प्रेमान धरशी तांकां पोटा कडेन । आवय जशी भुरग्या कडेन । तसो सांबाळशी तूं अवलिला ॥४॥ अशें कसलेंय सुत्र घुंवडायशी । कळचें ना कोणाक खंय आसशी । मात अखेरेक दिसता मनाशीं । आसा फाटल्यान तूं भक्तांच्या ॥५॥ ज्ञानी पंडीत शाणे सुरते । अभिमानान मुंगरतात संवसारगतें । भोळे बावडे अज्ञानी नेणटे । तांकां निजसत्तेन खेळयशी ॥६॥ भितरल्यान सगले खेळ खेळशी । अलिप्ततायेचो झेंडो मिरयशी । करून [२]अकर्तो स्वताच म्हणून घेशी । अकळ तुजें चरित्र ॥७॥ म्हणून कायेन वाचेन मनान । ओंपुया तुज्या चरणां कडेन । मुखांत अखंड नामस्मरण । जातलें क्षालन पापांचें ॥८॥ सकामाचें पूर्ण करशी काम । निश्कामाक दिशी निजसूखधाम । अशें तुजें गोड नाम । उपाय सोंपो सद्‌भक्तांक ॥९॥ तातूंतल्यान पापांचो जाता

१. ह्या जल्मांत, ह्याच देहांत मोक्षप्राप्तीचो अणभव मेळप. २. कांयच कर्तव्य उरूंक नाशिल्लो.

क्षय । रज तम वतले दुबावा विरयत । सत्वगुणाचो वाडटलो [1]उपचय । धर्म संचय उपरांत ॥१०॥ धर्मवृत्ती जातकूच जागृत । वैराग्य येता फाटल्यान धांवत । विशय वान्सा समूळ सोंपतात । तत्काळ मेळटा निजज्ञान ॥११॥ विवेकाक मेळटकूच ज्ञान । स्वस्वरुपांत लागता ध्यान । तेंच गुरूचरणीं [2]अवस्थान । नांव ताका पूर्ण 'गुरूअर्पण' ॥१२॥ मन साईचरणीं अर्पण । जालें हाची एकूच खूण । साधक जाता शांतीप्रवण । खुशालभरीत पूर्ण निजभक्ती ॥१३॥ सप्रेम गुरूभक्तीचेंच नांव 'धर्म' । पुराय तो हांवूच हें 'ज्ञानवर्म' । विशयांत उबगण 'वैराग्य' परम । संवसाराक '[3]उपरम' थंयसर ॥१४॥ अशे हे भक्तीचो महिमा धन्य । केलो जाल्यार जिवाभावान अनन्य । शांती विरक्ती किर्ती ह्यो तीन । सदैव जिच्या ताब्यांत ॥१५॥ गुरूभक्ती अशी जाका । उणें कितें आसतलें ताका । इत्सा धरिल्लें सगलें ताका । वतलें मेळत असुदाय ॥१६॥ अशे ते भक्ती वांगडा । ब्रह्मस्थिती नांवाची दासी मेळटा । थंय कोणूच ना मोक्षाक विचारता । लागतात तिर्थां पांयांक ॥१७॥ आदल्या अध्यायांत जालें कथन । दीक्षितांचें भागवत वाचन । नवयोग्यांचें भक्ती वर्णन । चरणदर्शन श्रीसाईंचें ॥१८॥ साईभक्त आनंदराव । पाखाडे जाचें आडनांव । सांगलें तांणी सपन [4]लाघव । भक्तीचें वैभव श्रीसाईंचें ॥१९॥ साई जाका घेता पदरांत । तो आसूं घरांत वा परदेशांत । आठूय प्रहर ताचे संगतींत । आसतले खात्रेन श्रीसाई ॥२०॥ भक्त जंय जंय वतात । थंय सदांच आसतात । पयलींच वचून उबे रावतात । दितात दर्शन अचकीत ॥२१॥ ह्या अर्थाची आगळी कथा । सांगतां श्रोत्यांनो तुमकां आतां । दिसतलें अजाप आयकतां । भरतलें मनूय खोशयेन ॥२२॥ हांगाचीं अक्षरां साईमुखांतल्यान । श्रद्धेन घेतकूच श्रवणांतल्यान ।

---

१. सांठो. २. उमळशीक. ३. मोक्ष. ४. मायावी प्रकार.

समाधीसूख येता फाटल्यान । [1]स्वानंदान तरतरता सदभाव ॥२३॥ जंय पावला पावलाक चमत्कारता । अशी आयकतकूच ही गोड कथा । स्वताकूच विसरतलो श्रोता । भरतलो गळो उमाळ्यांनी ॥२४॥ काकासाहेब दीक्षितांचो । व्हडलो पूत बाबू हाचो । नागपूरांत मूज बांदपाचो । केल्लो सुवाळो निश्चीत ॥२५॥ नानासाहेब चांदोरकर । तांचोय ज्येश्ठ पूत । ताच्याय लग्नाचो विचार । थारलें वचपाचें ग्वाल्हेराक ॥२६॥ मूज बांदून जाले उपरांत । लग्नसुवाळो ग्वाल्हेरांत । करपाचो विचार नानांच्या मनांत । काकांक येवपाक मेळचें म्हूण ॥२७॥ नागपूरच्यान ग्वाल्हेराक । येवप सोंपें जातलें काकांक । धरलो अशा म्हुर्ताक । बऱ्याक जो पडटलो दोगांकूय ॥२८॥ उपरांत साईंच्या दर्शनाक । लग्नाच्याय आमंत्रणाक । पावले खोशयेन शिरडीक । भक्तश्रेश्ठ नानासाहेब ॥२९॥ काकासाहेब आसले थंयच । नानांनी वचून मशिदींत । बाबांक जोडून हात । दिलें आमंत्रण लग्नाचें ॥३०॥ तेन्ना बाबांनी बरें म्हणलें । [2]शाम्याक वांगडा व्हरपाक सांगलें । फुडें दोन दिसांनी काकाय गेले । दिवपाक आमंत्रण मुजीचें ॥३१॥ तांकांय बाबांनी तेंच सांगलें । ''शाम्याक वांगडा व्हर'' म्हणलें । काका आगरो करपाक लागले । स्वता येवचें म्हूण बाबांनी ॥३२॥ ताचेरूय तत्काळ उत्तर । काशीप्रयाग करून सत्वर । म्हाका कसो जायत उशीर । पावतां पयलीं शाम्याच्याय ॥३३॥ आतां श्रोत्यांनो ह्या उतरांचेर । दिवन लक्ष जावचें अर्थतत्पर । पळोवपाक तांचें प्रत्यंतर । सर्वव्यापकताय श्रीसाईंची ॥३४॥ आसूं, जेवणां जातकर । माधवराव करपाक लागले विचार । एकदां पावतकूच ग्वाल्हेर । काशी मागीर पयस ती कितली ॥३५॥ नंदरामा [3]कडेन उश्णे मागले । शंबर रुपया खर्चाक घेतले । उपरांत बाबांक

१. ब्रह्म अणभवान. २. माधवराव देशपांडे. ३. शिरडीचो नंदराम मारवाडी.

सांगपाक गेले । विचारलें भोव आदरान ॥३६॥ आतां लग्न–मुजी निमतान । घडटा वचप ग्वाल्हेरा मेरेन । काशीकूय वच्चें त्याच निमतान । इत्सा मनांत जाल्या अशी ॥३७॥ तरी देवा पडटां पांयां । करून येवं व्हय काशी गया । बाबांनी वचपाक दिली आज्ञा । माधवरावांक खोशयेन ॥३८॥ आनीक वयर तांकां म्हणलें । ''हातूंत विचारपाचें कितें आसलें । यत्नां बगर जें घडून आयलें । साध्य करून तें घेवचें खात्रेन'' ॥३९॥ आसूं, अशी आज्ञा जाली । माधवरावांनी गाडी केली । कोपरगांवाची वाट धरली । भेट जाली तेन्ना [1]आपांची ॥४०॥ हाडपाक आपले नातीक । आपा वताले चांदवडाक । आयकून काशीचे खबरेक । उडी तांणी मारली टांग्यातल्यान ॥४१॥ काशी प्रवास करपाक । पयसो जरी नासलो गांठीक । तरीय माधवरावां सारक्यांच्या सांगाताक । सोडपाक मन जायनासलें आपांचें ॥४२॥ माधवरावांनी दिलो धीर । आपांक मागीर कसलो उशीर । खोशयेन गाडयेंत बसले सत्वर । प्रसंग तत्पर जावन ॥४३॥ आपा कोते पाटील [2]सधन । पूण प्रवासाक पयशे नात म्हणून । चुकतलें आपलें काशी प्रयाण । हुसको हो खर तांकां ॥४४॥ तरी व्हांवते गंगेंत धुंवचे हात । आयलें तांच्या मनांत । माधवरावां सारक्यांचो सांगात । मेळचो हो हेत आपांचो ॥४५॥ आसूं, तांची ही अडचण वळखून । वेळार तांकां धीर दिवन । माधवरावांनी सांगाताक घेवन । दिली काशी तांकां घडोवन ॥४६॥ फुडें ते गेले नागपूराक । मुजीच्या सुवाळ्याक । काकासाहेबांनी माधवरावांक । दिले खर्चाक रुपया दोनशें ॥४७॥ थंयच्यान गेले ग्वाल्हेराक । थंयच्या लग्न सुवाळ्याक । नानासाहेबांनी माधवरावांक । दिले तेन्ना रुपया शंबर ॥४८॥ नानांचो साडू श्रीमंत जठार । तांणीय दिले शंबर । अशे तरेन प्रेमसंभार ।

---

१. आपा कोते. २. गिरेस्त.

जालो गुरूभावाचेर नानांच्या ॥४९॥ काशीक मंगळघाटाचेर । जडावाचें कोरीव सुंदर । लक्ष्मी–नारायणाचें मंदीर । जाचे धनी हे जठार ॥५०॥ अयोध्येंतूय राममंदीर । आसा ह्याच जठारांचें सुंदर । दोनांय क्षेत्रांनी भोवमान आदर । करपाक सांगलो आपल्या मुनिमांक ॥५१॥ ग्वाल्हेराच्यान मथुरेक गेले । वांगडा [१]ओझे [२]बिनीवाले । [३]पेंढारकरूय आयिल्ले आसले । तिगूय परतले थंयच्यान ॥५२॥ माधवराव आनी कोते सांगातान । गेले प्रयागाक थंयच्यान । रामनमीच्या सुवाळ्या निमतान । अयोध्येक ते पावले ॥५३॥ एकवीस दीस थंय रावले । दोन म्हयने काशींत काडले । चंद्र–सूर्य गिराण जालें । दोगूय मागीर गेले गयेक ॥५४॥ गयेंत [४]ग्रंथीजोराची धाम । गल्ल्यागल्ल्यांनी लोक जाम । अशी पडिल्ली सगल्याक फाम । कळळी खबर तांकां रेल्वेंत ॥५५॥ रेल्वे पाविल्ली स्टेशनांत । तेन्ना जाल्ली बरीच रात । थंयच मागीर धर्मशाळेंत । रावले सुसेगाद दोगूय ॥५६॥ आसूं, जातकूच फांतोड । मेळपाक आयलो [५]गयावळ । ताणें म्हणलें करात [६]उतावळ । यात्राय सकळ चल्ली ॥५७॥ माधवराव खिन्न मनांत । हळूच तांकां विचारीत । 'येतां पूण जोराची [७]साथ । आसा व्हय वाठारांत तुमच्या' ॥५८॥ ताणें दिली जाप परत । स्वताच वचून पळयात । येयात तुमी दुबावा विरयत । थंय ना तसलो प्रकार ॥५९॥ आसूं, फुडें ते दोगूय जाण । गेले त्या गयावळा सांगातान । जाले खुशाल मनांतल्यान । पळोवन घर तांचें सोबीत ॥६०॥ खुशाल जावपाचें आनीक कारण । ते जेन्ना थंय बसले वचून । मुखार बाबांचो फोटू पळोवन । आयलो उमाळो माधवरावांक ॥६१॥ नासलें तांच्या मात्तूय मनांत ।

१. पळस्प्याचे ओझे आडनांवाचे इनामदार. २. हे नानासाहेबांचे साडू. ३. हे नानासाहेबांचे जांवय.
४. प्लेग. ५. गया वाठारांतलो उपाध्यक्ष. ६. ताकतीक. ७. धाम.

गयेअसल्या पयसुल्या वाठारांत । बाबांचो फोटू नदरेक पडत । अजापीत मन दोगांयचें ॥६२॥ माधवरावांचें काळीज रडलें । दोळे खोशयेच्या दुकांनी भरले । कित्याक तुमी अशे रडले । विचारलें तांकां गयावळान ॥६३॥ नासतना कसलेंच कारण । माधवराव रडटात तें पळोवन । गयावळ्याक दुबाव मारून । जालो खिन्न तो मनांत ॥६४॥ गया वाठारांत ग्रंथी जोर । कशी जायत यात्रा [१]निर्भर । माधवरावांच्या मनांत हो विचार । गयावळो बरोच दुखावलो ॥६५॥ पयलींच तुमकां सांगिल्लें । ग्रंथीजोर ना म्हणिल्लें । तरीय तुमी कित्याक दुबावले । अजाप दिसलें आमकां ताचें ॥६६॥ घेयात विचारून सगल्यांक । घालयात मनांतल्या दुबावाक । हांगा ना भिरांत तुमच्या केंसाक । दुकां कित्याक हाडटात दोळ्यांत ॥६७॥ धामीचो हांणी धसको घेतलो । धीर हो असो सोडलो । म्हणून रडपाक बसलो । पळयात कारणा बगर ॥६८॥ म्हणून गयावळ समजावपाक लागलो । माधवराव अजापीत जालो । म्हजे आदींच श्रीसाई पावलो । कशे तरेन हो हांगा ॥६९॥ ''काशी प्रयाग करून रोखडोच । पावतां शाम्याच्याय आदींच'' । बाबांच्या ह्या उतरांचोच । अणभव हो प्रत्यक्ष ॥७०॥ फोटू बाबांचो दोळ्यां मुखार । सरतनाच घरांत भितर । पळोवन अकल्पीत हो प्रकार । दिसलो चमत्कार आगळो ॥७१॥ गळ्यांत प्रेमाचो [२]गहिंवर । खोशयेच्या दुकांचो हुंवार । फुल्लो कांटो आंगभर । फुटलो पाझर घामाचो ॥७२॥ अशें माधवरावांच्या मनांत । गयावळ भलतेंच चिंतीत । ग्रंथीजोराची दिसून भिरांत । रडटात अशें दिसलें तांकां ॥७३॥ शामाच फुडें उमळशीक भरीत । गयावळांक तेन्ना विचारीत । सविस्तर आमकां हें सांगात । कसो हो फोटू पावलो हांगा ॥७४॥ फुडें गयावळान सांगलो । प्रकार माधवरावांक सगलो ।

१. हुसक्यामेकळी. २. उमाळो.

बारा वर्सां आदीं जो घडलो । कसलो तो आतां आयकात ॥७५॥ एक न्हय, दोन तिनशें नोकर । गयावळाचे पगारदार । मनमाड आनी पुणतांब्या भितर । नोंदी सविस्तर दवरीत ॥७६॥ यात्रेकारांची करप सोय । गयावळांचो सदांचो वेवसाय । चलिल्लें आसतना अशें कार्य । गयावळ एकदां आयलो शिरडीक ॥७७॥ साई समर्थ व्हड संत । अशें तांणी आयकल्लें वृत्त । जावचें दर्शनान पावन पुनीत । धरून हेत ते आयले ॥७८॥ घेतलें साईबाबांचें दर्शन । करून चरणांक वंदन । फोटू तांचो मेळोवचो म्हणून । इत्सा जाली मनांत ॥७९॥ माधवरावां कडेन आसलो एक । लायिल्लो फोटू वणटीक । गयावळ तो लागलो मागपाक । दिलो ताका विचारून बाबांक ॥८०॥ तोच तो फोटू पळयात । तोच हांव गयावळ याद करात । थंयच बाबा कशे म्हाका धाडीत । कशी घडयत भेट इतल्या तेंपान ॥८१॥ प्रत्यक्षांत पळोवंक गेल्यार । बारा वर्सां फाटली खबर । कोण धरीत कित्या खातीर । उगडास हो इतलो पोरणो ॥८२॥ पूण बाबांची लिला अगाध । थंयच धाडलो शामाक ज्युस्त । थंयच आपलें दर्शनूय दीत । धादोसलो गयावळूय उपाट ॥८३॥ हीच ती दिल्ली तुमचे थंयच्यान । साईबाबांची आज्ञा घेवन । ह्याच गयावळाक काडून । जालो उगडास शामाक ॥८४॥ हांचेच कडेन आदीं आपूण । राविल्लों तेन्ना शिरडीक येवन । हांणीच घडयिल्लें बाबांचें दर्शन । जालो उगडास गयावळाक ॥८५॥ मागीर एकामेकांचे कृत उपकार । उरली ना खोशयेक शीममेर । वेवस्थेचोय तोच प्रकार । केलो तांणी शामा बाबतींत ॥८६॥ कितली गिरेस्तकाय तांची घरची । दारांत उबी हती पालखी । आपूण बसले पालखेंत मदीं । शामाक बसयले हतयाचेर ॥८७॥ खोशयेन विष्णुपदाचेर वचून । पुजासाहित्य वांगडा घेवन । घालें देवाक अभिशेक न्हाण । केलें पिंडप्रदान यथायोग्य ॥८८॥ जालें मागीर ब्राह्मणसंतर्पण । निवेद्य

समर्पणा सयत जेवण । खोसयेन जाली यात्रा पूर्ण । घेतली करून ती बाबांनी ॥८९॥ आसूं, हे सगले कथेचो सार । सार्थ बाबांच्या मुखांतलें उतर । अणभवाक येता अक्षरान अक्षर । प्रेमूय उपाट भक्तांचेर ॥९०॥ हें भक्तप्रेम न्हय इतलेंच । हेर जिवांकूय पळयत सारकेच । तांचेय कडेन एकरुपताय तितलीच । आवड ही तांची अमर्याद ॥९१॥ केन्ना व्हाळा वयल्यान मशिदींत येतना । सहज वाटेन चलतां चलतना । बोकडांचो चोंबो मेळ्ळो तेन्ना । जाली खोस तांकां उपाट ॥९२॥ तेन्ना त्या पुराय चोंब्या वयल्यान । अमृत नदर आपली भोंवडावन । तांचे मदल्यान केन्ना एक दोन । काडटाले ते बोकड्यो वेंचून ॥९३॥ धनी जें तांचें मोल सांगीत । बाबा तत्काळ काडून दीत । कोंडाजी कडेन हाडून दवरीत । अशी ही पद्दत बाबांची ॥९४॥ एका दिसा बोकड्यो दोन । मोल रुपया बत्तीस दिवन । बाबा आयले विकत्यो घेवन । जालें अजाप सगल्यांक ॥९५॥ पडटकूच त्यो दोनूय नदरेक । बाबा संतोशले त्या खिणाक । वचून तांचे कुशीक । भोंवडायलो हात फाटी वयल्यान ॥९६॥ मोनजातीच्या जल्मांत पळोवन दोगांक । कृपा आयली श्रीसाईसमर्थांक । स्थिती पळोवन कळवळो मनाक । उपाट प्रेम तांचे विशीं ॥९७॥ धरून तांकां पोटा कडेन । प्रेमान पोशेलीं समर्थान । भक्तमंडळी अजापीत नदरेन । उरली पळयत तो प्रकार ॥९८॥ फाटल्या जल्माचो लोभ परम । स्मरलो साईंक आयलो प्रेम । पळोवन तांचो मोनजात जल्म । मन तांचें तेन्ना कळवळें ॥९९॥ मोल जिचें रुपया दोन फकत । चडांत चड चार आसत । तिचे खातीर सोळा दीत । पळोवन तें [१]तात्या अजापले ॥१००॥ ''देई वाणी घेई प्राणी'' । अशें प्रत्यक्ष पळोवन दोळ्यांनी । तात्या सयत माधवरावांनी । धिक्कारली कृती बाबांची ॥१०१॥

१. तात्या गणपत पाटील कोते.

दोगांयचे सोळा कित्याक दिले । बाबा कितें पयशांचें मोल विसरले । काय मनाक येत तें करपाक लागले । बोध कसलोच जायना तांकां ॥१०२॥ दोगूय मनांत जळफळळे । इतले पयशे कित्याक मोडले । दोगांयनी बाबांक दुशण दिलें । पद्दत कसली ही वेपाराची ॥१०३॥ अशे कशे बाबा फसले । पळोवंक सगले लोक जमले । बाबा तरीय शांत रावले । जाणटाले फसूंक ना म्हणून ॥१०४॥ जरी हे दोगूय अशे तिडकले । बाबांक दुशण दिवपाक लागले । तरीय बाबांक ना वायट दिसलें । ठाम उबे शांतीसुखान ॥१०५॥ मागीर भोव नम्र जायत । दोगूय ते बाबांक विचारीत । ही कसली दानशुरपणाची रीत । रुपया बत्तीस तुमी वगडायले ॥१०६॥ फकत पयशांचो तो प्रस्न । हांसले श्रीसाई आयकून । मनांत म्हणीत कशें म्हणून । कळना करचें समाधान ह्या पिश्यांचें ॥१०७॥ पूण बाबांची शांती विलक्षण । थिराय ढळनासली अणू प्रमाण । हेंच परम शांतीचें लक्षण । अजाप सगले करतात ॥१०८॥ राग ना जांच्या आंगांत । परम शांतीचोच जो अणभव नित्य । भावी जो भगवंत भूतमात्रांत । कशी तांकां आफुडची अविवेकताय ॥१०९॥ विवेक नदरेचे जे [1]निधडे । रागाक येवपाक दिनात फुडें । अचकीत जेन्ना प्रसंग [2]जडे । उगडटा भांडार शांतीचें ॥११०॥ ''अल्ला मालिक'' कायम ध्यान । ताचें कितलें वर्णूं म्हानपण । चरित्र अगाध आनीक गहन । भोव पावन हिताचें ॥१११॥ ज्ञानगर्भ वैराग्यनिधी । निजशांतीचो जो [3]उदधी । दयेन भरिल्ली जाची बुद्दी । उलयले [4]त्रिशुद्धी तें आयकात ॥११२॥ पळोवन आगरो दोगांयचो । बाबांचोय निर्धार मनाचो । ज्या म्हाका घर ना जागो बसपाचो । त्या म्हाका संग्रह कित्याक ॥११३॥ म्हणलें वचून दुकानांत । पयलीं दाळ घेवन येयात । तण त्या बोकडांक दियात । पावयात मागीर धनगरा कडेन ॥११४॥ आज्ञे प्रमाण मागीर तत्काळ । बोकडांक खावपाक

१. पराक्रमी. २. येता. ३. दर्या. ४. कूड, उतर, मन हांची शुद्धताय.

दिली दाळ । मागीर वगडायनासतना वेळ । व्हरून सोडलीं कळपांत ॥११५॥ मुर्तिमंत परोपकार । तोच हो प्रत्यक्ष श्रीसाई अवतार । ताका तात्या शामा वा हेर । सुविचार कितें सुचयतले ॥११६॥ दाळ घालून परम प्रेमान । बोकडांक त्या समाधानी पळोवन । म्हणलें पावयात धनया कडेन । घेवं दी सुसेग कळपांत ॥११७॥ रुपया सारके रुपया गेले । बोकडूय धनयाक दिले । फुडें बाबा सांगपाक लागले । कथा तांच्या फाटल्या जल्माची ॥११८॥ जसो तात्या तसोच शाम । दोगांयचेर तांचें तितलेंच प्रेम । तांचो राग तोय मानून परम । कथा म्होंवाळ लागले सांगपाक ॥११९॥ श्रीसाई स्वता आपूण । करपाक लागले निवेदन । बोकडांच्या आदल्या जल्माचें कथन । तुमीय आयकात श्रोत्यांनो ॥१२०॥ आदल्या जल्माचें तांचें सुदैव । मनीस आसले तेन्ना ते जीव । व्हड तांचो कर्मप्रभाव । बसताले म्हजे सरेनूच ॥१२१॥ हे जे बोकड आतां दिसतात । खाश्श्या भाव फाटल्या जल्मांत । विसरले नातें झगड्यांत । घेतलो जीव एकामेकांचो ॥१२२॥ भावाभावांत प्रेम उपाट । आदीं सोडिनासले कसोच सांगात । कसलीय गजाल एकमतान करीत । पूण जाले दुस्मान अचकीत ॥११३॥ अशे खाश्श्या भाव जरी । कर्मभोगान तांचे मदीं । संपत्ती वयल्यान पडून दरी । जाले दुस्मान सासणाचे ॥११४॥ व्हडलो भाव सामकोच आळशी । धाकलो रातदीस त्राशी । ताणें जोडल्यो दुडवांच्यो राशी । जाली नसाय व्हडल्याक ॥१२५॥ काडल्यार हाचो कांटो । दुडवांक येवचो ना तोटो । विचार असो आयलो खोटो । आशेखोराच्या त्या मनांत ॥१२६॥ जालो कुड्डो हावरटपणान । विसरलो भावपण आपलें आपूण । आनी मागीर तातूंतल्यान । जालो दुस्मान भावाचो ॥१२७॥ परम कठीण प्रारब्धभोग । जालो कारणा बगर वैरयोग । लागलो येवजुपाक कपट प्रयोग । नडलें आशेखोरपण ताकाच ॥१२८॥ आयुश्य तांचें सोंपिल्लें । भावपण सामकेच विसरले । दुस्मानकायेन पिसावले । पेटलें केस्तांव दोगांय मदीं ॥१२९॥ मारून दांडो

तकलेर । एकल्यान दुसऱ्याक उडयलो सकयल । ताणें कुराडीचो करून [1]वार । घेतलो जीव ताचो सोमतोच ॥१३०॥ मागीर ते बेशुद्द जावन । पडले भरून रगतान । खिणांत जाग्यारूच प्राण । वचून पावले पंचत्व ॥१३१॥ असो जातकूच अंत । पावले दोगूय हे योनींत । असो तांचो हो वृत्तांत । स्मरलो म्हाका पळोवन त्या बोकडांक ॥१३२॥ ते कृतकर्म भोगपाक । आयले बोकडांच्या जल्माक । अचकीत पळोवन कळपांत दोगांक । दया तांची आयली ॥१३३॥ म्हणून खर्चून पयशे पदरचे । दिसलें तांकां सूख दिवचें । पूण थंयसरूय कर्म तांचें । आयलें आडवे तुमकां लागून ॥१३४॥ बोकडां विशीं त्या दया काळजांत । पूण तुमी उबे विरोधांत । म्हणून सोडपाक तांकां कळपांत । जालों हांव तयार अखेरेक ॥१३५॥ आसूं, हांगा सोंपली कथा । माफ करात म्हाका श्रोतां । फुडलो अध्याय फुडें आयकतां । जातले अशेच धादोशी ॥१३६॥ तोय परम प्रेमभरीत । तेंय श्रीसाई मुखांतलेंच अमृत । हेमाड साईचरणीं [2]विनत । जावन मागतां श्रोत्यां कडेन ॥१३७॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । काशी गया आगमन, बोकडजल्म कथनं नांवाचो हो शेचाळिसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. धपको. २. नम्र.